GRADE :10 **FUNCTIONAL KONKANI (S 1233)**

**SYLLABUS AND ASSESSMENT SCHEME 2026-2027**

| गद्य | पद्य | व्याकरण | रचना |
|---|---|---|---|
| 1. चुकिल्ली वाट<br>2. हांसतें हॉलंड<br>3. अवकाशविरांगना कल्पना चावला<br>4. आमचो वावर आनी आमचे जमनीची गिरेस्तकाय<br>5. बाबूमामालो पणस<br>6. हॊ वसो आयलो कसो?<br>7. फाल्यांचान विडी बंद<br>8. कर्तव्याचें मीस<br>9. दो. फ्रांसीश्कु लुईश गॉमिश<br>10. सैमिक अरिश्टां आनी आमी<br>11. तूंच घरचो पूत<br>12. शिगमो | 1. मागणे<br>2. काणी विज्मीतांची<br>3. तूं चल रें फुडें<br>4. मोगाळ मांय<br>5. सासणाच्या काळ वडाक<br>6. आत्मो आमचो एक<br>7. दर्याचें गीत<br>8. चान्न्याचे राती | 1. वाक्प्रचार<br>2. उरफाटीं उतरां<br>3. विशेशण<br>4. भावनाम<br>5. अव्यय वापरून एक एक वाक्य बरयात<br>6. वाक्य शुद्ध<br>7. वचन<br>8. काळ<br>9. उतरांची मांडणी | 1. संवाद<br>2. उतारो आनी प्रस्न<br>3. अणकार<br>4. चित्रांच्या आदारान काणी पुराय करात<br>5. आपोवणें (आमंत्रण पत्रिका)<br>6. चीट<br>7. नोकरेचो अर्ज<br>8. निबंद |
| | | | |
| गद्य : 25 | पद्य : 14 | व्याकरण :15 | रचना : 26<br><br>TOTAL : 80 MARKS |

# FUNCTIONAL KONKANI (T.L.) (CWSN)
## MODEL QUESTION PAPER

**Subject Code**

| S | 1 | 2 | 3 | 3 |
|---|---|---|---|---|

**Total No. of Questions: 64** **Maximum Marks: 80** **Time: 03 Hours**

---

**सुचवण्योः** **(1) उजवे वाटेन दिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण आसात.**
**(2) सगळ्यो जापो प्रस्नपत्रिकेचेर बरोवच्यो.**

---

*** सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधानां मुखार बरोवन वाक्य पुराय बरयात: (3)**

**1.** आयज सायमनान आपणाल्या सर्गेस्त ____________________________________.

- पायचीं उतरां खरीं करून दाखयिल्लीं.
- मांयचीं उतरां खरीं करून दाखयिल्लीं.
- जॉनीचीं उतरां खरीं करून दाखयिल्लीं.
- लोकांचीं उतरां खरीं करून दाखयिल्लीं.

**जाप:** ______________________________________________________

**2.** बाबूमामान आपणाल्या भागेल्याक ________________________.

- माडार चडून जून जूनशीं आडसरां काडूंक सांगलीं.
- पेरीर चडून जून जूनशीं पेरां काडूंक सांगलीं.
- आंब्यार चडून जून जूनशीं तोरां काडूंक सांगलीं.
- पणसार चडून जून जूनशीं पणसुलां काडूंक सांगलीं.

**जाप:** ______________________________________________________

**3.** पुनवे दिसा परत सगळे खेळगडे ________________________________________.

- खळार जमतात.
- मांडार जमतात.
- मळार जमतात.
- आंगणांत जमतात.

**जाप:** ______________________________________________________

*** सकयल पाठांतलीं विधानां दिल्यांत. तांच्या सकयल तांच्या बरोवप्यांचीं नांवां दिल्यांत तीं वळखून बरयात: (2)**

**4.** सादूरताय बाळगीत जाल्यार जिवीतहानी टाळूं येता.

- सखाराम शेणवी बोरकार
- अजित पैंगिणकार

- डॉ. नारायण भास्कर देसाय
- प्रो. लक्ष्मणराव सरदेसाय

**जाप:** ____________________

5. फुलांच्या शेतांचें हें हास्य इतलें रमणीय की सुमार ना.
    - शणै गोंयबाब
    - मधुसूदन बोरकार
    - हेमा नायक
    - दत्ता दामोदर नायक

**जाप:** ____________________

*** सकयल दिल्लीं विधानां कोणें कोणाक म्हणल्यांत तें पर्यायांतल्यान वेंचून बरयात: (4)**

6. "हांव तर ह्याच खिणाची वाट पळयतां."
    - कल्पना चावलान एका भारतीय पत्रकाराक म्हणलें.
    - कल्पना चावलान एका भारतीय अधिकाऱ्याक म्हणलें.
    - कल्पना चावलान एलीसन ओनीसुकाक म्हणलें.
    - कल्पना चावलान लोकांक म्हणलें.

**जाप:** ____________________

7. "तूं आयज म्हऱ्यांत आसचें अशें दिसता गो."
    - केशवान दादीक म्हणलें.
    - केशवान प्रतापाक म्हणलें.
    - केशवान प्रणिताक म्हणलें.
    - केशवान मंदाकिनीक म्हणलें.

**जाप:** ____________________

8. "तुजी जीब धवीफुल्ल जाल्या."
    - पुतान बरोवप्याक म्हणलें.
    - इश्टान बरोवप्याक म्हणलें.
    - नातीन बरोवप्याक म्हणलें.
    - सुनेन बरोवप्याक म्हणलें.

**जाप:** ____________________

9. "असोच त्या मदल्या रस्त्यान नीट वच."
    - तरणाट्यान जाणटेल्याक म्हणलें.
    - शेजाऱ्यान जाणटेल्याक म्हणलें.
    - ड्रायव्हरान जाणटेल्याक म्हणलें.

- राखण्यान जाणटेल्याक म्हणलें.

**जाप:** ________________________________________

*** सकयल दिल्ल्यो पाठांतल्यो रित्यो सुवातो पर्यायांतलें फावो तें उतर वेंचून काडून बरयात: (4)**

**10.** ते कडयेची रूच, ----- आनी दमदम कितें सांगूं?

- वास
- तीखसाण
- परमळ
- सुगंध

**जाप:** ________________________________________

**11.** पुर्सो आनी गुरूजी ----- भितर सरतात.

- रागारागान
- बेगीबेगीन
- गडबडीन
- नेटनेटान

**जाप:** ________________________________________

**12.** पुताखातीर रडपी ताची ----- सावचीत जाली.

- अस्तुरी
- आवय
- भयण
- बायल

**जाप:** ________________________________________

**13.** तरणाटो दो. फ्रांसीश्कू लुईश गॉमीश ----- जावन आयिल्लो.

- सरपंच
- आमदार
- मंत्री
- खासदार

**जाप:** ________________________________________

*** सकयल दिल्ल्या खंयच्याय स प्रस्नांच्यो जापो आठ तें धा उतरांनी बरयात: (12)**

**14.** लोकवेदाचें स्वरूप कितल्या प्रकारांनी मोडटा?

**जाप :** ________________________________________

**15.** सोनियान कसलें व्हड काम केल्लें?

**जाप :** ______________________________

**16.** बरोवप्याचे सुनेन बोवाळ करून कोणाक आपयलें?

**जाप :** ______________________________

**17.** बाबूमाम नव्या सोमाराची संद पळोवन देवाक कितें दाखयतालो?

**जाप :** ______________________________

**18.** हॉलंडाक हिऱ्यांचो देश कित्याक म्हणलां?

**जाप :** ______________________________

**19.** आपल्या सपनांक आकार दिवंक कल्पना चावलान खंय प्रवेश घेतलो?

**जाप :** ______________________________

**20.** शिळोण्यां कसलो वैज आशिल्लो?

**जाप :** ______________________________

*** सकयल दिल्ल्यो कवितेंतल्यो रित्यो सुवातो दिल्ल्या पर्यायांतलें फावो तें उतर वेंचून बरयात: (4)**

**21.** म्हज्या समेस्त पेल्यांक खळखळ ----- दियात.

- मोवसाण
- नितळसाण
- बारीकसाण
- खारसाण

**जाप :** ______________________________

**22.** शिटूकसाणेन पळयत फुडें ----- उडोवचें.

- जोतें
- पांय
- चप्पल
- पावल

**जाप :** ______________________________

**23.** झुजामळार जोडचें ----- भारतीय सगळे आमी, आत्मो आमचो एक.

- जैत
- यश
- विजय
- अपयश

**जाप :** ______________________________

**24.** उतरां मोगाचीं शिंपया ----- शेतांत.

- सुपीक
- पिकाळ
- पोरसां
- भाटां

**जाप :** ____________________

*** सकयल दिल्ल्या खंयच्याय पांच प्रस्नांच्यो जापो आठ तें धा उतरांनी बरयात: (10)**

**25.** पिडे मांद्रेर लोळटना कोणाक नाद ना?

**जाप :** ____________________

**26.** कवी धर्तरेकडेन कितें मागता?

**जाप :** ____________________

**27.** नक्षत्रांचीं चंवरां खंय झडटात?

**जाप :** ____________________

**28.** वडान कसले सुवाळे भोगले?

**जाप :** ____________________

**29.** आयले तडीक कितें आसा?

**जाप :** ____________________

**30.** कवी खंय नाचूंया गावंया म्हणटा?

**जाप :** ____________________

*** सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी आडी मारिल्ल्या उतरांचे सुवातेर तांच्या सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो वाक्प्रचार वापरून विधानां पुराय करात: (3)**

**31.** आवय बापूय भुरग्यांखातीर <u>खूब कश्ट काडटात</u>.

- शिंगा लावप
- शीम मेर उरप ना
- रातीचो दीस करप
- हाताभायर वचप

**जाप :** ____________________

**32.** पुस्तक वाचतां वाचतां सियाक <u>न्हीद आयली.</u>

- कानार पडप
- दांत पाजोवप
- आंग काडप

- दोळो लागप

**जाप :** ______________________________

**33.** अचकीत जिवाण्याक पांयांकडेन पळोवन मोहन खूब भिलो.

- मळबभर खोशी जावप
- कच्च जावप
- सूर्या पडप
- सावचीत जावप

**जाप :** ______________________________

*** सकयल दिल्ल्या उतरांचीं उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात: (2)**

**34.** शेवट

**जाप :** ______________________________

**35.** मोटो

**जाप :** ______________________________

*** सकयल दिल्ल्या उतरांचीं विशेशणां करून बरयात: (2)**

**36.** खोलाय

**जाप :** ______________________________

**37.** तीखसाण

**जाप :** ______________________________

*** सकयल दिल्ल्या उतरांचीं भावनामां करून बरयात: (2)**

**38.** सोबीत

**जाप :** ______________________________

**39.** देशी

**जाप :** ______________________________

*** सकयल दिल्लीं अव्ययां वापरून एक एक वाक्य करात: (2)**

**40.** पूण

**जाप :** ______________________________

**41.** शी!

**जाप :** ____________________

*** सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी कंवसांत दिल्ले सुचवणेप्रमाण बदल करून बरयात: (4)**

**42.** तीका एक फल मेळ्ळें. (वाक्य शुद्ध करून बरयात)

**जाप :** ____________________

**43.** दुकानां बंद आसात. (वचन बदलून बरयात)

**जाप :** ____________________

**44.** वणटीर पाल भोंवता. (काळ वळखून बरयात)

**जाप :** ____________________

**45.** नासली रातभर लायट काल. (उतरांची योग्य मांडावळ करची)

**जाप :** ____________________

*** सकयल दिल्लो संवाद दोन इश्टामदीं आसा. तो तुमच्या उतरांनी बरयात:**

रोहन – आरे आतीफ, खंय वता?

**46.** आतीफ – ____________________ **(2)**

रोहन – हॉस्पिटलांत कोण आसा?

**47.** आतीफ – ____________________ **(2)**

रोहन – बरें. सांबाळून वच आनी यो.

*** सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात: (4)**

झाडांबगर मनशाक जिवीत ना. देखून झाडांचो सांगात मनशान सोडूंक जायना. तीं आमकां फुलां, फळां, मदेर, जळव दितात. कांय झाडां-पाल्यांच्या वखदांनी आमचे कितलेशेच रोग बरे जातात. कागदां, फस्कां, गोम तरेतरेचीं तेलां तयार करपाक आमकां झाडां पालव दितात. झाडां वातावरण थंड आनी शुद्ध दवरतात. हाचेखातीर चडांत चड झाडां रोवपाची गरज आसा.

**प्रस्न:**

**48.** मनशान झाडांचो सांगात कित्याक सोडूंक जायना?

**जाप :** ____________________

**49.** मनशाक झाडां-पाल्यांचो कितें फायदो आसा?

**जाप :** ____________________

**50.** वातावरण थंड आनी शुद्ध कोण दवरतात?

**जाप :** ____________________

**51.** वयल्या उताऱ्याक फावोसो माथाळो दियात?

**जाप :** ______________________________________________________________

*** सकयल दिल्लीं वाक्यां वाचून तांचो कोंकणींत अणकार करून बरयात: (2)**

**52.** India is my country. All Indians are my brothers and sisters.

जाप : ______________________________________________________________

*** सकयल दिल्ली अर्दकुटी काणी चित्रांच्या आदारान 40 ते 45 उतरांनी पुराय करून बरयात. काणयेक फावो तो माथाळो आनी देख बरयात:**

**53.** माथाळो : ______________________________________________________ **(1)**

एका रानांत एक शींव रावतालो. खूब दीस जाले ताका एकूय सावज मेळूंक नासलें. भुकेन ताचें पोट आनी फाट एक जाल्ली. पोट भरपाक कसलें सावज मेळत काय ह्या विचारान तो भोंवतालो.



भोंवतां भोंवतां तो एका मळार पावलो. त्या मळार लागींच्या गांवांतलीं कांय गोरवां चरतालीं तीं ताचे नदरेक पडलीं.

**54.** ______________________________________________________________ **(1)**



शींव आमचेर नदर दवरून आसा हें गोरवांनी जुस्त पारखिलें. कितेंय करून आपणालो जीव सांबाळपाक जाय अशें तांणी थारायलें.

**55.** ______________________________________________ **(1)**



अचकीत एक गाय चरतां चरतां गोरवां हिंडांतल्यान पयस पावली. हेर गोरवांचें तिचेर लक्ष गेलें ना. शिंवाक आयती संद मेळ्ळी.

**56.** ______________________________________________ **(1)**

**57.** देख : ______________________________________________ **(1)**

**वा**

**58. आकें, साश्ट हांगाच्या सेंट तेरेझा विद्यालयांत कोंकणी काणी सांगपाची सर्त आयोजीत केल्ले कार्यावळीचें आपोवणें (आमंत्रण पत्रिका) तयार करात:**

**जाप :**

| कोंकणी काणी सांगपाची सर्त | |
|---|---|
| ______________________________ | **(1/2)** |
| ______________________________ | **(1/2)** |
| ______________________________ | **(1)** |
| तारीख : ______________________ | **(1/2)** |
| दीस : ______________________ | **(1/2)** |
| थळ : ______________________ | **(1/2)** |
| आयोजक : ______________________ | **(1/2)** |
| चत्राय : ______________________ | **(1)** |

**59. तूं रोलन डायस / रोजिता डायस, घर क्र. 20, बामणाभाट, आंबावली, केपें – गोंय ह्या नाम्यार रावता. तुजे घरचीं तुजो जल्मदीस मनोवपाची आसात. ताचें आपोवणें दिवपी चीट तुज्या इश्टाक / इश्टिणीक बरयात: (5)**

**जाप :** ______________________________

**वा**

**60. सकयल दिल्ली जायरात वाचून आरव नायक / आरवी नायक, घर क्र. 80, देवूळवाडो, मांद्रें - पेडणें सावन सकयल दिल्ल्या पदा खातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात.**

**गरज आसा**
वॉचमॅन
शिक्षणीक पात्रताय 10 वी पास
कोंकणी येवप गरजेचें
अणभव आसप गरजेचें
पुराय माहिती सयत अर्ज करात
संपर्क : वेवस्थापक, डिमेलो इण्डस्ट्रीज, करासवाडा - बार्देस.

**जाप** : नामो

______________________________ **(1/2)**

तारीख: ______________________________ **(1/2)**

वेवस्थापक

______________________________ **(1/2)**

विशय : ____________________________________________________________ **(1/2)**

भोवमानेस्त ______________________________________________ हांव हो अर्ज करतां.

नांव : ____________________________________________________________

पिराय : ____________________________________________________________

जल्म : ____________________________________________________________

लिंग : ____________________________________________________________

नामो : ____________________________________________________________

शिक्षण : ____________________________________________________________

अणभव : ____________________________________________________________

आवड / छंद : ____________________________________________________________

संदर्भाखातीर : ____________________________________________________________

म्हजी पात्रताय दाखोवन ____________________________________________ **(2 1/2)**

बरें मागून

____________________________________________________________ **(1/2)**

*** सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर 80 ते 100 उतरांचो निबंद बरयात: (6)**

**61.** बाजारांत एक वर

**62.** झाडाची आपजीण

**63.** कोयर आनी मनीस

**64.** मोबायल आनी विद्यार्थी

**जाप :** ____________________________________________________________